फुडले काय म्हयन्यात भारत एआय तंत्रगिन्यानाचो बुन्यादी साचो तयार करतले अशे इलेक्ट्रोनीक्स आनी तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैशणव हांणी सांगले. नवी दिल्लीत पत्रकारांकडेन उलयतना वैशणव हांणी फुडे सांगले की भारताचो एआयचो हो बुन्यादी साचो जागतीक पातळीवेल्या सर्वोत्तम साच्याकडेन सर्त करपी दर्जाचो आसतलो. भारताचो स्वताचो असो हो साचो तयार करपाखातीरची आराखडो थारोवन तेखातीरचे प्रस्ताव मागयल्यात. तशेच एआय सुरक्षा संस्था स्थापना करपाची घोशणाय मंत्र्यानी हेवेळार केली. भारताचे एआय मिशनाच्या प्रगतीचेर उजवाड घालतान भारतान ग्राफीक्स प्रोसेसींग युनीट जीपीयू टार्गेट गाठिल्ल्याचे तांणी कळीत केले. १८ हजार ६९३ जीपीयूचे अनावरण केला आनी येणाऱ्या दिसानी ही सेवा स्टार्टअप्स,संशोधक आनी डेव्हलोपर्सांक उपलब्ध आसतली अशी म्हायती वैशणव हांणी दिली. भारताकडेन आता उच्च दर्जाचे १५ हजार जीपीयू उपलब्ध आसात अशे तांणी सांगले.

सुरक्षेचेबाबतीत उपस्थित केल्ले प्रस्नाचेर वैशणव हांणी जाप दितना भारतीय सर्व्हरावरवी सगले नियंत्रीत जातले म्हूण म्हायती दिली. आधुनिक तंत्रज्ञान हे प्रत्येकाक उपलब्ध जावपाक जाय हे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे विचार आशिल्ल्याचे तांणी निमणेकडेन सांगले.

४ फेब्रेरमेरेन प्रयागराज महाकुंभाचे सुवातेर गाडयांक उत्तर प्रदेश सरकारान प्रतिबंध केला. भाविकांची सुरक्षा तशेच गर्दी आनी येरादारी वेवस्थापनाचे नदरेन हो निर्णय घेतला. फकत सामक्या गरजेच्या गाडयांकूच महाकुंभ मेळ्याच्या सुवातीर प्रवेश दितले अशे प्रयागराजच्या येरादारी फाट्याचे अतिरिक्त पोलिस अधिक्षक अंशुमन

मिश्रा हांणी आकाशवाणीकडेन उलयतना सांगले. आमचे प्रतिनिधीन दिल्ले म्हायतीप्रमाण संगमघाटाचेर जाल्ले दुर्घटनेत ३० लोकांक मरण आयले उपरांत भाविकांचे सुरक्षेचे नदरेन राज्य सरकारान जतनायेची साबार पावला उखलल्यात. हे घडणूकेची पळोवणी करपाखातीर उत्तर प्रदेशाचे मुखेल सचीव मनोज कुमार सींग आनी पोलिस म्हासंचालक प्रशांत कुमार घडणूक थळार पावल्यात.

मध्यप्रदेशात पन्ना जिल्ल्यातले जे.के.सिमेंट कारखान्यात बांदकाम चालू आशिल्लो सिलींग स्लॅब कोसळून दोग जाणांक दुर्देवी मरण आयले जाल्यार हेर कितलेशेच जाण जखमी जाल्यात. मेळिल्ले अधिकृत म्हायतीप्रमाण जखमी लोकांक फुडले उपचारांखातीर इस्पितळात दाखल केल्यात. ढिगाऱ्यापोंदा आडकल्ले कामगारांक भायर काडपाखातीर पोलिस दळ तशेच प्रशासनाचे शर्थीचे यत्न चालू आसात.

महात्मा गांधीजींच्या सत्त्यातरावे पुण्यतिथी  आनी हुतात्मा दिसा निमतान आयज राष्ट्र तांका श्रद्धांजली ओंपता.ह्या निमतान आयज सकाळीं नवी दिल्लींत बापूंच्या राजघाटवेले  समाधीकडेन सर्वधर्म प्रार्थनासभा जाली.

ह्या वेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराश्ट्पती  जगदीप धनखड, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी हांणी महात्मा गांधीजींच्या समाधीक फुलांची आर्गां ओंपलीं. केंद्रीय मंत्री राजनाथ सिंग,  मनोहर लाल, तिनूय सशस्त्र दळांचे मुखेली आनी संरक्षण कर्मचारीय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी आयज दिल्ली विद्यापिठांत तरणाट्यां खातीर विकसीत भारत विशयाचेर वेगवेगळ्या म्हाविद्यालयांच्या विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादलो.

तरणाटे नासतना विकसीत भारताची कल्पना करप शक्य ना अशें विद्यार्थ्यांक संबोधीत करतना डॉ.जयशंकर हांणी सांगलें. तरणाट्यांक सर्जनशील स्वातंत्र्य दिवपाची आनी वेगवेगळ्या मळार उत्कृश्टताय मेळोवपा खातीर तांकां शिक्षण दिवपाची गरज तांणी उक्तायली.

डॉ जयशंकर हांणी विद्यार्थ्यांक आपापल्या मळार उत्कृश्ट कामगिरी करपाक प्रोत्साहन दिलें. विद्यार्थ्यांनी अपेक्षांचो भार घेवचो न्हय असो सल्लो तांणी दिलो. तरणाट्यां खातीर अजून खूब कितें साध्य करपाचें उरलां अशें तांणी सांगलें.

काल सांजे जम्मूत मौलाना आझाद मैदानाचेर 'बिटींग रिट्रीट' सादरीकरणान फाटले ४ दीस जम्मू आणि काश्मिरात सुरु आशिल्लो गणतंत्र दिसाच्या सुवाळ्याचो समारोप जालो. हेवेळार सशस्त्र दळाचे जावानानी तशेच जम्मु आनी काश्मिराचे पोलिसानी देशभक्तीवर गीता, ब्रास बॅण्ड, पायप ड्रम बॅण्ड, ए मेरे वतन के लोगो आनी हेर गीतानी उस्थितांक मंत्रमुग्ध केले. लेफ्टनंट गव्हर्नर मनोज सिन्हा सुवाळ्याक मुखेल मानेस्त म्हूण हाजीर आशिल्ले. हेवेळार सिन्हा हांचे हस्तुकी जम्मु आनी काश्मिराचे पोलिस, सुरक्षा दळांचे अधिकारी, आदले जवान, परेड कमांडर, डेप्युटी परेड कमांडर, प्रशासकीय अधिकारी, एनसीसी कॅडेट्स, सांस्कृतिक सादरीकरण कलाकार, दिव्यांग भुरगी, तशेच

विंगडविंगड खात्यांच्या चित्ररथांचो भौमान सुवाळो जालो. म्हायती आनी पब्लिक रिलेशन खात्यान आयोजीत केल्ले राष्ट्रभक्तीपर गीत सर्तीच्या जैतिवंतांक सिन्हा हांणी इनामा भेटयली. सारे जहाँ से अच्छा हे गीताचेर फोग आनी खासा रोषणाईत बिटींग रिट्रीट सुवाळो रंगलो आनी राष्ट्रगितान सुवाळ्याची सांगता जाली.